# <u>कदंबाच्या बसीतल्यान सामानाची विक्री</u>

ता. 3 एप्रिल 2020

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान सोयीचो बदल केल्ल्या कदंब येरादारी महामंडळाच्या बस गाड्यांनी  जेवणाखाणाच्या आवश्यक सामानाची विक्री सुरू केल्या. सध्या खात्यान उत्तर गोंयांत एक आनी दक्षीण गोंयांत एक मेळून दोन बसीतल्यान सामानाच्या विक्रीक सुरवात केल्या आनी उपरांत अशा तरेन आनीक बसगाड्यांनी सेवा सुरू करतले.

ह्या सेवेचो उद्देश म्हळ्यार लोकांक जेवणाखाणाचे आवश्यक सामान तांच्या दारामेरे पावोवप, जेणे करून लोक आपल्या घरांत सुरक्षीत रावतले आनी तांका गरजेचे सगळे सामान मेळटले. भुसारी दुकानां पासून पयस आशिल्ले निवासी प्रकल्प, गांवगिरे वाठार आनी उद्देगीक वसणूक वाठारांनी ह्या सेवेचो भर आसतलो. तांदुळ, डाळ, मीठ, साखर, हळदी पावडर, चा पावडर आनी हेर आवश्यक सामान लोकांक ह्या गाड्यांनी उपलब्ध करतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/213

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA